# मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं संवसारीक युवा कुशळटाय दीस कार्यक्रमाचे उक्तावण

ता. 11 जुलय 2024

उद्देगीक प्रशिक्षण संस्थांतल्या अभ्यासक्रमांनी व्हड प्रमाणात बदल जाल्लो आसून आयज उद्देगीक प्रशिक्षण संस्थांतल्यान उद्देगीक आस्थापनांखातीर लागपी कुशळ मनीसबळ तयार जावपाक लागला, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज कुशळटाय विकास आनी उद्देजकताय संचालनालया वतीन कला अकादमीत आयोजीत राज्य पांवड्या वयल्या संवसारीक युवा कुशळटाय दीस कार्यक्रमाचे उक्तावण केल्या उपरांत उलयतना सांगलें.

कार्यक्रमाक ग्रामीण विकास यंत्रणेचे संचालक श्री. गोपाळ पार्सेकर, नियोजन, सांख्यिकी आनी मुल्यांकन खात्याचे संचालक श्री. विजय सक्सेना, पणजी आयटीआय चे अध्यक्ष श्री. गौरिष धोंड, टाटा टॅक्नोलॉजीचे दक्षीण भारत प्रमुख प्रशांत हंडिगुंड, ताज चे वरिश्ट उपाध्यक्ष (ऑपरेशन) रंजीत फिलिपोस आनी हेर मानेस्त उपस्थित आशिल्लें.

डॉ. सावंत हांणी "कुशळ गोंय, खुशाल गोंय" ची घोशणा दिवन गोंय राज्यांतल्या आयटीआय संस्थांनी शिकोवपात येवपी अभ्यासक्रमांचो दर्जो सतत सुदारत आसा. तशेंच कांय आयटीआय संस्थांनी सोलर टेक्निशन, ड्रोन टेक्निशन अशें नवीन अभ्यासक्रम सुरू केल्ले आसून प्रशिक्षणार्थ्यांक रोजगार क्षेत्रांत नवीन संदी उपलब्ध जाल्ल्यो आसात, अशें तांणी सांगलें.

डॉ. सावंत हांणी स्किल,, री-स्किल आनी अप-स्किला वरवीं मनीस बळाचो पुरेपूर वापर करप शक्य आशिल्ल्याचे सांगून कुशळटाय विकासातल्यान गोंयांक आत्मनिर्भर करपाक मदत जातली, अशें सांगलें. आयटीआय संस्थांतल्यान आवश्यक मनीसबळ तयार करपाच्या उद्देशान उद्देगीक आस्थांपना वांगडा कबलात केल्ल्याचेय तांणी सांगलें. गोंयच्यो आयटीआय संस्थां आयएसओ प्रमाणित जाल्ले खातीर मुख्यमंत्र्यान समाधान उक्तायले.

राज्यसभा खासदार, श्री सदानंद शेट तानावडे हांणी आपल्या भाशणात आयटीआय अभ्याक्रमांनी सुदारणा जाल्ल्यान कुशळ मनीसबळ तयार जावपाक लागला आनी तरणाट्यांक रोजगार मेळपाक मदत जाल्या, अशें सांगून आयटीआय संस्थांवांगडा कबलात केल्ल्या उद्देगीक आस्थापनांचे उपकार मानले.

ह्या वेळार दिवचल, काकोडा, फार्मागुडी, म्हापसा आनी वास्को आयटीआय केंद्रांनी एक्सेलन्स केंद्रांचे उक्तावण केले.

तशेंचआयटीआय संस्थां आनी उद्देगीक आस्थापनांमदीं समजीकाय कबलातीचेर सय जाली.

कुशळ कारागीर, विविध कौशल्य सर्तींचे जैतिवंत विद्यार्थी हांचो ह्या वेळार सत्कार जालो.

सुरवातीक कुशळटाय विकास आनी उद्देजकताय सचिव श्री प्रसाद लोलयेकर हांणी उपस्थितांक येवकार दिलो, जाल्यार कुशळटाय विकास आनी उद्देजकताय संचालक श्री एस एस गावकर हांणी

निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2024/305

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,Panaji – Goa.